**म्हायती खात्याच्या तीन कर्मचाऱ्यांक सेवानिवृत्ती निमतान निरोप**

ता. 1 मार्च 2024

म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्याचे कर्मचारी छायाचित्रकार श्री दिवाकर देसाय, मल्टी टास्किंग स्टाफ श्री गुरुनाथ बोरकर आनी श्री पुरुषोत्तम परवार  हांका सेवानिवृत्ती निमतान खात्याच्या कर्मचाऱ्यांनी काल निरोप दिलो.

श्री दिवाकर देसाय हे 1998 वर्सा, श्री गुरुनाथ बोरकर 1986 वर्सा आनी श्री पुरषोत्तम परवार 1992 वर्सा खत्याच्या सेवेत रूजू जाल्ले.

खात्याचे संचालक श्री दीपक बांदेकर हांणी  सेवानिवृत्ती ही एका नवीन अध्यायाची सुरुवात आशिल्ल्याचे सांगून सेवानिवृत्त कर्मचाऱ्यांक तांची फुडली जीण खुशालभरीत आनी  निरोगी वचू अशी परबीं दिली.

म्हायती अधिकारी श्री प्रकाश नाईक, श्री ऑल्विन परेरा, श्री सिल्व्हेस्टर ईस्तिबेरो हांणी सेवानिवृत्त कर्मचाऱ्यांनी केल्ल्या सेवेची तोखणाय करून तांका सेवानिवृत्त जीणेत परबीं दिली.

खात्याचे जोड संचालक श्री गणराज मोरजकर, सहाय्यक लेखाधिकारी श्रीमती हेजल आल्मेदा, कार्यालयीन अधीक्षक श्रीमती मनीषा नाईक आनी हेर  अधिकारी आनी कर्मचारी निरोप कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें. सहाय्यक म्हायती अधिकारी श्री श्याम गावकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/142

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.